*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*<u>सरकारी पत्रक</u>*

**<u>राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक दसऱ्याची परबीं</u>**

ता. 07 ऑक्टोबर 2019

राज्यपाल श्रीमती मृदुला सिन्हा हांणी गोंयच्या लोकांक दसऱ्याच्या शुभप्रसंगार हुनहुनीत परबीं आनी शुभकामना भेटयल्यात.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, भारत देश आपली संस्कृती आनी परंपरा, जात्रां आनी उत्सवां खातीर फामाद आसा. भारतीय लोक प्रत्येक उत्सव व्हडा उमेदीन आनी श्रध्देन मनयतात आनी आनंद घेतात. दसरो हो एक असोच उत्सव जो देशात सगळें कडेन मनयतात. दसऱ्याच्या उत्सवाक "विजयादशमी" अशेंय म्हणटा. हो उत्सव श्रीरामान दुश्ट रावणाचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक जावन आसा. श्रीराम हे सत्याचे प्रतिक जाल्यार रावण हे वायट शक्तीचे प्रतिक. त्या दिसा सावन भारतातले लोक विजयादशमीचो दिस शुभ आनी उत्सवाचो दीस मानतात आनी बऱ्या गुणांनी वायट प्रवृत्तीचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक म्हुण हो दीस मनयतात. हो दीस म्हळ्यार न्हय रामाच्याच जैताचे प्रतिक जाल्यार मनीसजातीच्याय जैताचे प्रतिक जावन आसा. ह्या दिसाक चड म्हत्व आसा, जेन्ना जेन्ना समाजात गोंदळ जाता आनी वायट प्रवृत्ती मानवतेचेर अत्याचार करपाचो यत्न करता तेन्ना मनीसजातीच्या रक्षणा खातीर परमेश्वराची शक्ती प्रकट जाता.

दसऱ्याच्या ह्या शुभ प्रसंगार आमी सगळ्यांनी आमच्या मदले वायट विचार लासून उडोवपाचो आनी खुशालकायेच्या जीणेखातीर बरे गुण आत्मसात करपाचो सोपूत घेवया. ह्या वर्सा दसऱ्याचो उत्सव प्रत्येकाच्या जीणेत चड खुशालकाय, भरभराट आनी शांतीकाय घेवन येव, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/668

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA